२३-०६-२०२५

सकाळी - ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

- संयुक्त राष्ट्रांचे महासचिव आंतोनियो गुटेरेस हांणी न्यू यॉर्कातल्या जोड राष्ट्रांच्या मुख्यालयात सुरक्षा परिषदेच्या आपत्कालीन खासा सत्रात संवसारात शांतीकाय दवरपाचे केले आवाहन.

- इराणचे विदेशवेव्हर मंत्री अब्बास अराग्ची रशियाचे राश्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतिन हांचेकडेन चर्चा करपाखातीर मॉस्कोत पावले.

- ऑपरेशन सिंधू खाला आतामेरेने १ हजार ८००परस चड भारतीयांक इराण आनी इस्रायलातल्यान परतून भारतात सुरक्षित हाडले.

- चार राज्यांतल्या पाच विधानसभा सुवातांखातीर जाल्ल्या पोटवेचणुकांची मतमेजणी सुरु.

- थायलंडांत जाल्ले आशियाई पॅरा-बॅडमिंटन चॅम्पियनशिप 2025 सर्तींत भारतान 27 पदकां जोडली.

आंतोनियो गुटेरेस - १२०

संयुक्त राष्ट्रांचे महासचिव आंतोनियो गुटेरेस हांणी न्यू यॉर्कातल्या जोड राष्ट्रांच्या मुख्यालयात सुरक्षा परिषदेच्या आपत्कालीन खासा सत्रात संवसारात शांतीकाय दवरची अशें आवाहन केला. अमेरिकेन इराणच्या अणु केंद्रांचेर केल्ल्या हल्ल्यांउपरांत उप्राशिल्ले संकश्ट उणे करपाखातीर तांणी बेगोबेग उपाय येवजण

करची असो उलो मारलो. प्रतिकाराची भिरांत आनी व्यापक झुज जावचें न्हय म्हूण बेगोबेग यत्न करचे असोंय उलो तांणी मारलो. आंतरराष्ट्रीय शांतीकाय आनी सुरक्षे संबंदीत सत्रात उलयताना तांणी इराणाचेर अमेरिकेचो हल्लो हो वाठारांतल्या इबाडत वचपी परिस्थिती खातीर एक विनाशकारी वळण आसा अशी शिटकावणी दिल्या. संयुक्त राश्ट्रांच्या मुखेल्यानी राजनीतीक उपाय करचो असोय उलो मारला.

रशिया, चीन आनी पाकिस्तानान सुरक्षा मंडळाची आपत्कालीन बसका आपोवन बेगोबेग आनी बिनशर्त झुजबंदी करपाचो प्रस्ताव मांडलो. अमेरिकेच्या हल्ल्या आड आपली राखण करपाचो इराणाक अधिकार आसा अशें परीशदेतले इराणचे प्रतिनिधी अमीर सईद इरावानी हांणी म्हळे.

पबित्रा मार्गेरिटा - १००

विदेशवेव्हार राज्यमंत्री पबित्रा मार्गेरिटा हांणी काल राती इराणच्या मशहादातल्यान एका खासा विमानान नवी दिल्लीत पाविल्ल्या २८५ भारतीय नागरिकांक विमानतळार येवकार दिलो. आतामेरेन १,७१३ भारतीयांक ऑपरेशन सिंधू खाला इराणातल्याना सुरक्षितपणान परत हाडला अशें मार्गेरिटा हांणी सांगले. फुडल्या दोन दिसांत इराणातल्यान आनीक २ ते ३ विमान उड्डाणांचे नियोजन केला अशी माहितीय तांणी दिली. मंत्रालय इराण आनी इस्रायलातल्या सगळ्या भारतीय नागरिकांच्या संपर्कात आसा अशेंय तांणी म्हळे.

इराणातले भारतीय दूतावास व्हड संख्येन भारतीय नागरिकांक सुरक्षित सुवातेर व्हरुन परतून भारतात हाडपाक मजत करता. इराणातल्या भारतीयांक तेहरानातल्या भारतीय दूतावासाच्या आपत्कालीन हेल्पलाइन आनी नवी दिल्लीतल्या विदेश मंत्रालयाच्या २४ वरां नियंत्रण कक्षाच्या संपर्कात रावपाचो सल्लो दिला.

उपराष्ट्रपती - ५०

नोएडातल्या ॲमिटी युनिव्हर्सिटीत भारतीय विद्यापीठांच्या संघटनेच्या थापणूकेक १०० वर्सानिमतान आयोजित राष्ट्रीय कुलगुरू परिषदेचे उक्तावण उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हांच्या हस्तुकी आयज जातले. 'फुडारातल्या उच्च शिक्षणाचे नदरेन:भारताची मध्यवर्ती भूमिका' हो ह्या दोन दिसांच्या परिषदेचो विषय आसा. देशातल्या सुमार तीनशे विद्यापीठांचे कुलगुरू ह्या परिषदेत वाटेकार जातले. तेपेकी सुमार दोनशे विद्यापीठा व्हर्च्युअल पद्धतीन ह्या परीशदेत वाटेकार जातल्यो.

प्रधानमंत्री - ७०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल इराणचे राश्ट्राध्यक्ष मसूद पेझेश्कियान हांचेकडेन चर्चा केली. इराण आनी इस्रायलामदी सुरू आशिल्ल्या संघर्षात हालीच्या काळात वाडील्ल्या तणावाविशी खर हुस्को उक्तायला. इराणच्या अणुकार्यावळीक खीळ घालपाच्या इस्रायलच्या यत्नात अमेरिकेन वाटो घेतल्याउपरांत कांय वरांतूच ही चर्चा जाली.

सध्याच्या परिस्थितीविशी सविस्तर चर्चा केली अशें सोशल मिडीया पोस्टात प्रधानमंत्र्यांनी म्हळा. तणाव उणो करपाखातीर, संवाद करपाचे आवाहन हेवेळार प्रधानमंत्र्यांनी केले. प्रादेशिक शांतीकाय, सुरक्षा आनी थिरताय बेगोबेग हाडपाचे आवाहन केले.

अमित शहा - ६०

केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा हांच्या अध्यक्षतायेखाला काल सांजे नक्षलवादाक फुडो करपाखातीरची एक नियाळ बसका जाली. छत्तीसगडातल्या रायपूरात जाल्ल्या ह्या बसकेक नक्षलग्रस्त वाठारातले सात राज्यांचे पोलिस महासंचालक, अतिरिक्त पोलिस महासंचालक आनी वरिष्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, झारखंड आनी ओडिशा हांचो तातूंत आस्पाव

जाता. फुडल्या वर्सा ३१ मार्चमेरेन देश नक्षलवादापासून मुक्त जातलो, अशें घरमंत्री अमित शहा हांणी म्हळे.

हवामान - ८०

आयज उदेंत राजस्थान, अस्तंत मध्य प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र, नागालँड, मणिपूर, आसाम आनी बिहारातल्या कांय वाठांरात उटंगाराचो पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्त्यायला.

हरियाणा, चंदीगड, दिल्ली, पंजाब, उत्तर प्रदेश, जम्मू आनी काश्मीर, लडाख, झारखंड, केरळ आनी माहे ह्या वाठारांनी उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. २६ जूनमेरेन वायव्य भारतात वादळ आनी खर वाऱ्यांसयत हलको ते मध्यम पावस पडण्याची शक्यताय आसा. मजगती, नैऋत्य मान्सून हिमाचल प्रदेश, जम्मू आनी काश्मीरच्या खूपश्या वाठारात, पंजाबच्या कांय वाठारात आनी पूराय लडाखात दाखल जाला.

पोटवेचणुकांची मतमेजणी - ३०

चार राज्यांतल्या पाच विधानसभा सुवातांखातीर जाल्ल्या पोटवेचणुकांची मतमेजणी आयज जातली. गुजरातातल्या विसावदर आनी काडी, केरळातल्या निलांबूरात, अस्तंत बंगालातल्या कालीगंज आनी पंजाबातल्या लुधियाना अस्तंत मतदारसंघाच्या पोटवेचणूकांखातीर १९ जूनाक मतदान जाल्ले.

इराण-रशिया चर्चा - ५०

इराणचे विदेशवेव्हार मंत्री अब्बास अराग्ची हे चर्चेखातीर रशियातल्या मॉस्कोत पावले. अमेरिकेच्या हल्ल्याउपरांत प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय घडणूकांचेर ते राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतिन आनी हेर वरिष्ठ अधिकाऱ्यांकडेन चर्चा करतले.

इराण आनी रशियामदी महत्वाची भागीदारी आसा आनी तांणी सदांच एकामेकां कडेन सल्लो घेतला तशेच समन्वय केला अशें काल तुर्कीतल इस्तांबूलात जाल्ल्या पत्रकार परिषदेत तांणी सांगले.

Mah Conf – 100

संसद आनी राज्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या विधीमंडळांच्या अदमास समित्यांची दोन दिसांची राष्ट्रीय परिशद आज मुंबयंत सुरू जातली. अर्थसंकल्पीय अदमासाचेर प्रभावी निरिक्षण आनी नियाळ घेवपाक अदमास समित्यांची भुमिका, प्रशासनांतली कार्यक्षमताय आनी अर्थवेवस्था हांचेर परिशदेंत चर्चा जातली.

अंदाज समितीच्या ७५ व्या वर्धापन दिसा निमतान ही परिषद आयोजित केल्या. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला आणि राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश हे परिषदेक उपस्थित रावतले. महाराष्ट्राचे राज्यपाल सी.पी. राधाकृष्णन, मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे आणि अजित पवार, महाराष्ट्र विधान परिषदेचे अध्यक्ष प्रा. राम शंकर शिंदे, महाराष्ट्र विधानसभेचे अध्यक्ष राहुल नार्वेकर आणि संसदेच्या अंदाज समितीचे अध्यक्ष डॉ. संजय जयस्वाल उद्घाटन सत्रात उपस्थित रावतले.

RAJNATH-PRESIDENT BOOK - 80

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आज नवी दिल्लीत 'विंग्स टू अवर होप' या पुस्तकाचे प्रकाशन करतले. हे पुस्तक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी तांच्या कार्यकाळाच्या दुसऱ्या वर्सात दिलल्या ५१ भाषणांचे संकलन आसा. हे संकलन राष्ट्रपती मुर्मू हांचे विचार, तांचे जीवन तत्वज्ञान आणि तांच्या प्राधान्यक्रम प्रतिबिंबित करता. माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव आणि राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन हे या कार्यक्रमात सहभागी जातले. हें पुस्तक हिंदी, इंग्लीश आनी ऑनलायन आवृत्तींतय उजवाडाक येतलें. हें पुस्तक राष्ट्रपती भवनान संकलित केलां आनी प्रकाशन विभागान उजवाडाक हाडलां.

HARDEEP PURI - WEST ASIA - 100

फाटल्या दोन सप्तकां सावन अस्तंत आशियांतल्या विकसीत जावपी भूराजनीतीक परिस्थितीचेर सरकार बारीकसाणेन नदर दवरून आसा अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी काल सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत पुरी हांणी सांगलें, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतान फाटल्या कांय वर्सांत आपले पुरवणेंत विविधताय हाडल्या. तेल विपणन कंपनीं कडेन कितल्याशाच सप्तकांची पुरवण आसा आनी जायत्या मार्गांतल्यान उर्जेची पुरवण चालूच आसा अशी म्हायती तांणी दिली.

पॅरा-बॅडमिंटन - ७०

थायलंडांत जाल्ले आशियाई पॅरा-बॅडमिंटन चॅम्पियनशिप 2025 सर्तींत भारतीय खेळगड्यांनी 27 पदकां मेळयली. तातूंत चार भांगरा, 10 रुप्या आनी 13 कांस्य हांचो आस्पाव आसा. हे सर्तींत भारताची ही सगळ्यांत बेसबरी कामगिरी थारल्या. पदक जैतीवंत खेळगड्यांमदीं पॅरिस पॅरालिंपिक भांगरा पदक जैतीवंत खेळगडो नितेश कुमार, रुप्या पदक जैतीवंत खेळगडो तुलसीमाथी मुरुगेसन आनी कांस्य पदक जैतीवंत खेळगडे मनीषा रामदास हांचो आस्पाव आसा. ही सर्त थायलंडांत ह्या म्हयन्याच्या 17 ते 22 जून मेरेन जाली.

अँडरसन-तेंडुलकर ट्रॉफी - ७०

लीड्सात सुरु आशिल्ल्या अँडरसन-तेंडुलकर ट्रॉफीच्या पयल्या कस लावपी क्रिकेट खेळात भारताचो पयलो डाव ४७१ धावंड्यात सोपल्या उपरांत काल इंग्लंडाचो पयलो डाव ४६५ धावंड्यात सोपलो. येजमान पंगडाच्या, ऑली पोप हांणे १०६ आनी हॅरी ब्रूक हांणे ९९ धावंड्यो केल्यो. कालचो तीसरे दिसाचो खेळ सोपलो तेन्ना भारतान आपल्या दुस-या डावात २ बाद ९० धावंड्यो केल्यो. केएल राहुल ४७ आनी कर्णधार शुभमन गिल ६ धावंड्याचेर खेळता. भारतान ९६ धावंड्यांची आघाडी घेतल्या.